नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

Date :19/01/2025

07.25 AM

PM Mann Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीवेल्या ‘मन की बात’ कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. म्हयन्याळ्या कार्यावळीचो हो 118वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

-------------------------------

Shripad Naik

केंद्र आनी राज्य सरकारान एडसाच्या दुयेसाचेंर नियंत्रण दवरपाक महत्वाची पावला उबारल्यात.एडसाच्य दुयासान कितल्याश्याच जाणांचे जीव घेतला.ताका लागुन ह्या दुयेसाविंशी जागृताय करुन ताका मुळासकट हुमटुन उडोवपाकजाय अशे मत नवीन आनी नूतनीकरणीय ऊर्जा केंद्रिय राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हांणी व्यक्त केला. श्रीपाद नायक हांच्या हस्तुकी काल नॅशनल रेड रिबिन मेरोथोनाच्य दुसऱ्या आवृत्तीचे पणजे मिरामार सर्कला लागी बावटो दाखोवन उक्तावण जाले. एडसाच्या दुयेसाविंशी जागृताय करप महत्वाचे. देशभरात लेगीत एडसाच्या दुयेसाचेर निंयत्रण येवप गरजेचे आसा अशे मत राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी ह्यावेळार म्हणला. ते समारोप सुवाळ्याक मुकेल सोयरे म्हण उलयताले.

-------------------------------

Bird festival

शुक्रारा 17 जानेवारीक सुरू जाल्लो आठवो अखिल गोवा बर्ड फेस्टिवल आयतारा 19 जानेवारी मेरेन चलतलो . हो बर्ड फेस्टिवल कोटीगांव अभयारण्यांत सुरू जाला. ह्या तीन दिसांच्या महोत्सवाचें उक्तावण काल रानमंत्री विश्वजीत राणे हांणी केलें. ह्या महोत्सवांत सुकण्यां कडेन संबंदीत वेगवेगळी तंत्रीक म्हायती आनी सत्रां जातली. देशभरातल्यान सुमार 120 पक्षीप्रेमी आणि प्रतिनिधी ह्या महोत्सवात सहभागी जाल्यात. हाचोच एक भाग म्हणून मोले- उत्तर गोंय विभागांतल्या बायोडायव्हर्सिटी पार्कांत आठव्या गोंय राज्य पक्षी महोत्सवाची साईड इव्हेंटाक सुरुवात जाल्या. आज जाल्या मार्गदर्शनपर कार्यावळीत अभिनव विद्यामदीर हायस्कुल, मोले हांगाचे विद्यार्थी आनी प्राध्यापक. तसेच माधवरव तळावालीकार हायस्कुल-साकोर्डे, आणि अवर लेडी ऑफ पियटी हायस्कुल, कुळे या विद्यालयाचे विद्यार्थी सहभागी जाल्ले ह्या वेळार विद्यार्थ्यांनी तज्ञांच्या मार्गदर्शना खाला पक्षी ,सुकण्यांच्या बद्दल तंत्रीक माहिती प्राप्त करून घेतली आणि जाणकारांच्या विविध सत्रांनी वांटो घेतलो अशी माहिती उत्तर गोयचे वनपाल जिस वर्की हानी दिली.

--------------------------------

Gokarn

श्री गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठाधिश श्री विद्याधीशतीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजी हांचें पर्वरी शाखा मठांत रावपाची वेळ फाल्यां आयतारा सावन सुरू जाता. सांजवेळा 6:30 वरांचेर स्वामीजी वास्को सावन पर्वरी वटेन अटल सेतु कडेन पावतले. थंयच्यान मॅजेस्टीक सर्कल ते पर्वरी जीवोतम शाखा मठ मेरेन मिरवणुकेन तांकां येवकार दितले.

स्वामींचो पर्वरी मठांत रावपाचो काळ 26 जानेवारी मेरेन आसतलो. पर्वरी मठांत रावपाची स्वामींची ही पयलींच वेळ आसा. ह्या काळांत गीत रामायण, संतवाणी, रक्षात्रय हवन, विष्णु हवन, लक्ष तुळसी अर्चना, दुर्गा नमस्कार, श्री सूक्त हवन, लक्ष कुंकुमार्चन, मुद्रा धारण आनी सत्यनारायण व्रत अशें धर्मीक विधी जातलें.

24 जानेवारीक सांजवेळा 6 वरांचेर सभा कार्यावळ आयोजीत केल्या. 26 जानेवारीक सांजवेळा 5 वरांचेर स्वामीजी फुडल्या सुवातेर रावपाक वच्चें पयलीं आशिर्वचन जातलें

--------------------------------

Smart City

पणजे स्मार्ट सिटीच्या दुसऱ्या टप्प्यातले काम सुरू जालां. भाटले ते चार पिलार मेरेनचो रस्तो पयलींच बंद केला. आतां शारांतले आनीक स रस्ते बंद केल्यात. तांतूतले पांच रस्ते 18 जानेवारी ते 7 फेब्रुवारी मेरेन बंद आसतले. जाल्यार 18 जानेवारी ते 31 मार्च मेरेन आजून एक रस्तो बंद आसतलो. सध्या पणजी लोकोत्सव सुरु आसा. अशें परिस्थित हे रस्ते बंद केल्ल्यान शारांत येरादारीची कोंयडी जावपाची शक्यताय आसा.

मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, महात्मा गांधी रस्त्यावेल्या डॉन बॉस्को ते यूको बँक मेरेनचो 354 मीटर लांबायेचे रस्तो बंद केला. डॉन बॉस्को वा पणजी बाजारांत वचपा खातीर यूको बँकेंकडल्यान पी शिरगांवकार रस्तो - आत्मराम बोरकर रस्तो - शिक्षण खात्याच्या पोरणें इमारतीं कडल्यान मार्ग घेवचो पडटलो. लिबर्टी शोरूम ते विनंती रेस्टॉरंट मेरेनचो रस्तो कांय प्रमाणांत बंद आसतलो.

--------------------------------